# कायदो आनी न्याय मंत्रालय

## (विधिमंडळ खातें)

*नवी दिल्ली, 10 सप्टेंबर 2013, भद्र 19, 1935 (शके)*

सकयल दिल्ल्या संसदेच्या कायद्याक राष्ट्रपतींची 10 सप्टेंबर 2013 दिसा मान्यताय प्राप्त जाल्या आनी हो कायदो सर्वसामान्यांच्या म्हायतीखातार उजवाडाक हाडटा.

## राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो, 2013

## क्रमांक 20, वर्स 2013

(10 सप्टेंबर 2013)

परवडपासारक्या दरांत दर्जात्मक अन्नाचें योग्य प्रमाण निश्चित करून, आदरान जीण जगपाखातीर मानवी जीवन चक्र दृश्टीकोनांतल्यान अन्न आनी पोशणा संबंदान सुरक्षा पुरोवपाखातीर कायदो तयार केला.

प्रजासत्ताक भारताच्या 64 व्या वर्सा संसदेन सकयल दिल्ल्या प्रमाण अधिनियमित केला.

## प्रकरण I

## प्राथमीक

**1.** (1) हो कायदो राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो, 2013 म्हूण वळखतले. ल्हान माथाळो, विस्तार आनी सुरवात

(2) हो कायदो पुराय भारतांत लागू जातलो.

(3) हो कायदो 5 जुलै 2013 दिसा सावन चालीक लागला हें मान्य करप.

**2.** ह्या कायद्यांत, जोमेरेन संदर्भ गरजेचो ना तोमेरेन, – व्याख्या

(1) *अंगणवाडी* म्हणल्यार कलम 4, कलम 5 आनी कलम 6 च्या उपकलम (1) च्या उपवाक्य (ए) सकयल येवपी सेवा दिवपाक केंद्र सरकारच्या

एकवटीत बाल विकास सेवा येवजणे सकयल स्थापन केल्लें बाल सेवा आनी विकास केंद्र.

(2) मध्यवर्ती एकठावीत वर्ग म्हणल्यार अन्नधान्याचो सांठो जो-

(i) किमान मुलभूत आदार दुडू कार्यावळीखाला केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराकडल्यान केल्ली खरेदी.

(ii) आपत्तीकाळार थाकाय आनी अशे तरेच्या हेर येवजण्यांसयत मोखीक भौशीक वितरण वेवस्था आनी हेर कल्याणकारी येवजणे अंतर्गत वांटपाखातीर सांबाळून दवरलेलो.

(iii) उपवाक्य (ii) हातूंत नमूद केल्ल्या येवजणेखातीर सांठो म्हूण दवरलेलो.

(3) पात्र कुटुंबां म्हणल्यार कलम ३ च्या उपकलम (1) हातूंत संदर्भ आशिल्ल्या प्राधान्य कुटूंबा आनी अंतोदया अन्न येवजणेंत आस्पावन घेतिल्लीं कुटुंबां.

(4) सवाय धान्य दुकान म्हणल्यार मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थे वरवीं रेशनकार्डधारकांक अत्यावश्यक वस्तू कायदो 1955 च्या कलम 3 सकयल जारी केल्ल्या आदेशावरवीं अत्यावश्यक वस्तू वितरीत करपाखातीर परवानोप्राप्त दुकान. 1955 चे 10

(5) अन्नधान्य म्हणल्यार केंद्र सरकारान वेळावेळार जारी केल्ल्या आदेशावरवीं तांदूळ, गंव वा भरड धान्य वा खंयचेंय गुणवत्ता निकशांकडेन अनुरूप आशिल्लें धान्य.

(6) अन्न सुरक्षा म्हणल्यार अवेस्वर 2 हातूंत उल्लेख प्रमाण अधिकारप्राप्त अन्नधान्याची आनी जेवणाची पुरवण करप.

(7) अन्न सुरक्षा भत्तो म्हणल्यार कलम 8 सकयल अधिकार आशिल्ले व्यक्तीक संबंदीत राज्य सरकारान देणी आशिल्ली रक्कम.

(8) थळावें प्राधिकरण हातूंत पंचायत, नगरपालिका, जिल्लो मंडळ, छावणी मंडळ, शार नियोजन प्राधिकरण आनी आसाम, मणिपूर, मेघालय, मिझोराम, नागालँड आनी त्रिपूरा ह्या राज्यांनी, जंय पंचायती अस्तित्वांत ना थंय खाशेल्या थळाव्या वाठारांनी घटना वा स्वशासनाखातीर प्रचलीत आशिल्लो

कायदो वा हेर खंयची अधिकारिणी वा नागरी सेवा नियंत्रण आनी वेवस्थापनाखातीर विधीवत अधिकार दिल्ली संस्था हातूंतल्या खंयच्याय नांवान कार्यरत आशिल्लें ग्राम मंडळ वा समिती वा हेर खंयचेंय मंडळ.

(9) जेवण म्हणल्यार केंद्र सरकारान थारायिल्ल्या प्रमाण शिजयिल्लें गरम वा आदी शिजोवन वाडपावेळार गरम केल्लें वा घरा व्हरपाचें धान्य.

(10) किमान आधारभूत मोल म्हणल्यार मध्यवर्ती एकठावीत वर्गाखातीर केंद्र सरकार आनी राज्य सरकार आनी तांच्या संस्थांनी शेतकाऱ्यांकडल्यान विकत घेतिल्ल्या धान्यांचें केंद्र सरकारान घोशीत केल्लें समर्थन मोल.

(11) अधिसुचोवणी म्हणल्यार अधिकृत राजपत्रांत प्रकाशित केल्ली आनी ह्या कायद्याखाला जारी केल्ली अधिसुचोवणी.

(12) हेर कल्याणकारी येवजण्यो म्हणल्यार मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेभायल्यो अशे तरेच्यो सरकारी अतिरिक्त येवजण्यो जाचेखाला येवजण्यांचो भाग म्हूण अन्नधान्य वा जेवणाची पुरवण करता.

(13) अपंगूळ व्यक्ती म्हणल्यार, अपंगूळ व्यक्ती (समान संद, हक्कांचें रक्षण आनी पुराय सहभाग) कायदो, 1955 च्या कलम 2 च्या उपवाक्य (टी) हातूंत व्याख्या केल्लेप्रमाण व्यक्ती. 1996 चे 1

(14) प्राधान्य कुटुंबां म्हणल्यार कलम 10 सकयल निश्चीत केल्लीं कुटुंबां.

(15) निधारीत म्हणल्यार ह्या कायद्याखाला निधारीत केल्ल्या नेमांप्रमाण.

(16) रेशन काड म्हणल्यार मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थे सकयल सवाय धान्य दुकानांतल्यान अत्यावश्यक वस्तू विकत घेवपाखातीर राज्य सरकारचो आदेश वा अधिकारिणी वरवीं जारी केल्लो दस्तऐवज.

(17) गांवगिरो वाठार म्हणल्यार कांय वेळाखातीर कार्यान्वित केल्ल्या खंयच्याय कायद्याखाला स्थापन केल्ल्या शारी थळावी अधिकारिणी वा छावणी मंडळाखाला येवपी वाठाराभायले राज्यांतले हेर खंयचेय वाठार.

(18) परिशिश्ट (अनुसुची) म्हणल्यार ह्या कायद्याक जोडिल्लें परिशिश्ट.

(19) ज्येश्ट नागरीक म्हणल्यार पालक आनी ज्येश्ट नागरीकांचो सांबाळ आनी कल्याण कायदो 2007 च्या कलम 2 च्या उपवाक्य (एच) सकयल व्याख्या केल्ली व्यक्ती.

2007 चे 56

(20) समाजिक लेखा तपासणी म्हणल्यार कार्यावळ वा येवजणेच्या नियोजन आनी अंमलबजावणीची लोकांकडल्यान सामुहीकपणान जावपी मुल्यांकन आनी देखरेखेची प्रक्रीया.

(21) राज्य आयोग म्हणल्यार कलम 16 सकयल स्थापन केल्लो राज्य खाद्य आयोग.

(22) संघ प्रदेशा संबंदान राज्य सरकार म्हणल्यार घटनेच्या कलम 239 सकयल नियुक्त केल्लो प्रशासक.

(23) मोखीक भौशीक वितरण वेवस्था म्हणल्यार सवाय धान्य दुकानांतल्यान रेशन कार्ड धारकांक अत्यावश्यक वस्तूंची पुरवण करपाची वेवस्था.

(24) सतर्कताय समिती म्हणल्यार ह्या कायद्यासकयल्या सगळ्या येवजण्यांच्या अंमलबजावणीचेर देखरेख दवरपाखातीर कलम 29 खाला स्थापन केल्ली समिती.

(25) जे शब्द आनी शब्दप्रयोगाची व्याख्या हांगा करूंक ना पूण अत्यावश्यक वस्तू कायदो 1955 वा हेर खंयच्याय संबंदीत कायद्यांत केल्या, तांचो अनुक्रमान त्या कायद्यांत दिल्ले व्याख्ये प्रमाण अर्थ आसतलो.

1955 चे 10

## प्रकरण II

## खाद्य सुरक्षेखातीर तरतूद

मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थे खाला पात्र कुटुंबांतल्या व्यक्तींक अनुदानीत दरांत अन्नधान्य घेवपाचो अधिकार

**3.** (1) कलम 10 च्या उप कलम (1) खाला निश्चीत केल्ल्या प्राधान्य कुटुंबांतले दर एके व्यक्तीक मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थे वरवीं राज्य सरकाराकडल्यान परिशिश्ट 1 हातूंत थारायिल्ल्या प्रमाण अनुदानीत दरांत दर म्हयन्याक पांच किलो अन्नधान्य मेळटलें.

अंतोदया अन्न येवजणेखाला येवपी कुटुंबांक, हे येवजणेखाला केंद्र सरकारान दर एका राज्याखातीर थारायिल्ले व्याप्ती मेरेन, परिशिश्ट 1 हातूंत

निर्धारीत केल्ल्या दरा प्रमाण दर एका कुटुंबाक दर म्हयन्याक पस्तीस किलो अन्नधान्य मेळ्ळें जाल्यारूच.

जर कायद्याप्रमाण सर्वसादारण मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेप्रमाण खंयच्याय राज्याक अन्नधान्याचें वर्सुकी वांटप फाटल्या तीन वर्सांच्या अन्नधान्याचे सरासरी वर्सुकी उखलणेपरस उणें आसल्यार, केंद्र सरकारान निर्धारीत केल्ल्या दराप्रमाण ताका संरक्षण दिवपाक जाय आनी राज्यांक परिशिश्ट 4 त निर्धारीत केल्ले प्रमाण अन्नधान्याचें वांटप केलें जाल्यारूच.

*स्पश्टीकरण*– ह्या कलमाच्या उद्देशाखातीर, अंतोदया अन्न येवजण म्हणल्यार संबंदीत नांवांन केंद्र सरकारान 25 डिसेंबर 2000 दिसा सुरू केल्ली आनी ताचे उपरांत वेळावेळार सुदारीत केल्ली येवजण.

(2) उपकलम (1) हातूंत नमूद केल्ल्या पात्र कुटुंबांतल्या व्यक्तींक अनुदानीत रकमेन मेळपी हक्काचें प्रमाण गांवगिरे लोकसंख्येच्या पंच्चात्तर टक्क्यामेरेन आनी शारी लोकसंख्येच्या पन्नास टक्क्यामेरेन वाडोवं येता.

(3) उपकलम (1) प्रमाण, केंद्र सरकारान अशें तरेचीं मार्गदर्शक तत्वां थारायलीं जाल्यार ताचेप्रमाण, राज्य सरकारान पात्र कुटुंबांतल्या व्यक्तींक तांकां हक्कान मेळपी अन्नधान्या बदला गंवाच्या पिठाची पुरवण करूं येता.

गुरवार बायलांक आनी स्तनपान करपी आवयांक पुश्टीक आदार

(4) केंद्र सरकारान तयार केल्ल्या अशा तरेच्या येवजण्यांप्रमाण, दर एके गुरवार बायलेक आनी स्तनपान करपी आवयक अशे हक्क मेळटले–

(अ) अधिसुचोवणी 2 हातूंत निर्धारीत केल्ले प्रमाण पुश्टीक दर्जो पुराय करपाक थळाव्या आंगणवाडीवरवीं गुरवारपणांत आनी भुरग्याच्या जल्मा उपरांत स म्हयने फुकट जेवण; आनी

(ब) केंद्र सरकारान निर्धारीत केल्ल्या हफ्त्या प्रमाण, कमीत कमी स हजार रुपया बाळंटेर लाव मेळटलो.

केंद्र सरकार वा राज्य सरकार वा भौशीक हमी क्षेत्रांनी रोजगाराचेर आशिल्ल्यो सगळ्यो गुरवार बायलो आनी स्तनपान करपी आवयो वा वेळावेळार कार्यरत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्यावरवीं अशे तरेचो लाव घेवप्यांक उपवाक्य (बी) हातूंत निर्धारीत केल्लो लाव मेळचो ना.

भुरग्यांक पुश्टीक आदार

**5.** (1) उपवाक्य (ब) मदल्या तरतुदीप्रमाण, दर एका भुरग्याक पिरायेचीं चवदां वर्सांमेरेन ताच्यो पुश्टीक गरजो भागोवपाखातीर सकयल दिल्ले लाव मेळटले, देखीकः–

(अ) स म्हयने तें स वर्सां ह्या पिराय गटांतल्या भुरग्यांक तांचे पिरायेप्रमाण अधिसुचोवणी 2 हातूंत निर्धारीत केल्लेप्रमाण, तांच्यो पुश्टीक गरजो भागोवपाखातीर थळाव्या आंगणवाडीवरवीं योग्य तें फुकट जेवण मेळटलें.

स म्हयन्यासकयल्या भुरग्यांक पुरायपणान स्तनपानूच करप हे गजालीक फाटबळ दिलें जाल्यारूच.

(ब) यत्ता आठवी मेरेनचीं भुरगीं वा स तें चवदां वर्सां पिराय गटांतलीं भुरगीं, जें कितें लागू जाता ताचे प्रमाण, अधीसुचोवणी 2 हातूंत निर्धारीत केल्लेप्रमाण, तांच्यो पुश्टीक गरजो भागोवपाखातीर, सगळ्या थळाव्या, सरकारी वा सरकारी अनुदानीत शाळांनी शाळेचे सुटयेचे दीस सोडून दर दिसा एक फुकट मध्यान-आहार जेवण दितले.

(2) उपकलम (1)च्या उपवाक्य (बी) हातूंत नमूद केल्ले दर एके शाळेंत आनी आंगणवाडींत जेवण तयार करपाची, पिवपाच्या उदकाची आनी नितळसाणेची सुविधा आसपाक जाय.

केंद्र सरकारान जारी केल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्याप्रमाण, शारी वाठारांनी, गरज थंय, जेवण तयार करपाखातीर केंद्रीयकृत रांदचेकुडीची वेवस्था करपाक जाय.

भुरग्यांच्या कुपोशणाचें निवारण आनी वेवस्थापन

**6.** अधीसुचोवणी 2 त निर्धारीत केल्ल्यो पुश्टीक गरजो भागोवपाखातीर राज्य सरकारान थळाव्या आंगणवाडीवरवीं कुपोशीत भुरग्यांची वळख पटोवन तांकां फुकट जेवण दिवपाक जाय.

अधिकारप्राप्त वसुलीखातीर येवजण्यांची अंमलबजावणी

**7.** केंद्र सरकारान निर्धारीत केल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्याप्रमाण, केंद्र सरकार आनी राज्य सरकार हांचो खर्चाचो वांटो धरून, कलम 4, 5 आनी 6 सकयल मेळपी हक्कांचो आसपाव आशिल्ल्या येवजण्यांची राज्य सरकारान अंमलबजावणी करपाक जाय.

## प्रकरण III

## खाद्य सुरक्षा भत्तो

कांय प्रकरणांनी अन्नधान्य सुरक्षा भत्तो मेळोवपाचो अधिकार

**8.** अवेस्वर 2 तल्या पात्र व्यक्तींक तांच्या हक्काप्रमाण अन्नधान्य वा जेवणाची पुरवण जालीना जाल्यार, केंद्र सरकारान निर्धारीत केल्ले प्रमाण आनी वेळाभितर, संबंदीत राज्य सरकाराक दर एके व्यक्तीक खाद्य सुरक्षा भत्तो दिवचो पडटलो.

## प्रकरण IV

## पात्र कुटुंबांची वळख

मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेसकयल येवपी लोकसंख्येची व्याप्ती

**9.** कलम ३ च्या उपकलम (२) प्रमाण दर एका राज्यांतली गांवगिरी आनी शारी वाठारांतली मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेसकयल येवपी टक्केवारीची व्याप्ती केंद्र सरकार निर्धारीत करतलें. राज्यांतल्या अशा गांवगिऱ्या आनी शारी वाठारांतल्या वट्ट व्यक्तींचो आसपाव ह्यान पयलीं उजवाडायिल्ल्या जनगणनेच्या आदारान अंदाजे लोकसंख्येवेल्यान थारायतले.

राज्य सरकार मार्गदर्शक सुची तयार करतलें आनी प्राधान्य कुटुंबांची वळख करतलें

**10.** (1) कलम 9 वरवीं निर्धारीत केल्ल्या गांवगिऱ्या आनी शारी वाठारांतल्या व्यक्तींच्या संख्येप्रमाण राज्य सरकारान सकयल दिल्ले प्रमाण वळख करपाक जाय –

(अ) कलम 3 च्या उपकलम (1) त येवपी कुटूंबांक धरून, संबंदीत येवजणेक लागू जावपी मार्गदर्शक सुचोवण्यांक अनुसरून, अंतोदया अन्न येवजणेखाला येवपी कुटूंबांची वळख.

(ब) राज्य सरकार निर्धारीत करता त्या मार्गदर्शक सुचोवण्याप्रमाण उरिल्लीं कुटूंबां प्राधान्य कुटुंबां म्हूण मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेखाला घेवप.

ह्या उपकलमाखाला तयार केल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्याप्रमाण, कायद्याची सुरवात जाल्या उपरांत, बेगिनात बेगीन, म्हणल्यार तिनशें पासश्ट दिसांभितर, राज्य सरकारान पात्र कुटुंबांची वळख करपाक जाय.

तेचप्रमाण अशा कुटुंबांची वळख पुराय जाय मेरेन सद्याच्या मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेवरवीं केंद्र सरकाराकडल्यान राज्य सरकाराक अन्नधान्याची पुरवण चालूच उरतली.

(2) उपकलम (1) सकयल तयार केल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्याप्रमाण कलम 9 खाला निर्धारीत केल्ल्या गांवगिऱ्या आनी शारी वाठारांतल्या व्यक्तींच्या संख्येप्रमाण राज्य सरकाराक पात्र कुटुंबांची वळेरी अद्ययावत करची पडटली.

**11.** राज्य सरकारान वळख केल्ल्या पात्र कुटुंबाची वळेरी भौशीक संकेतस्थळार लोकांखातीर उपलब्ध करुन आनी ठळकपणान प्रदर्शित करपाक जाय.

पात्र कुटुंबांच्या वळेरेची उजवाडावणी आनी प्रदर्शन

## प्रकरण V

## मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेंत सुदारणा

**12.** (1) केंद्र आनी राज्य सरकारान मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेंत गरजेच्यो सुदारणा करपाखातीर ह्या कायद्यावरवीं तांकां दिल्ल्या कामाकडेन लागीं आशिल्लो प्रगतीशील यत्न करपाक जाय. मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेंत सुदारणा

(2) सुदारणाभितर हांचो आसपाव आसपाक जाय –

(अ) मोखीक भौशीक वितरण वेवस्था यंत्रणेच्या दारामेरेन अन्नधान्याची पुरवण.

(ब) सगळ्या पावंड्यांचेर वेव्हारांत पारदर्शकतायेची खात्री दिवपाक आनी पर्यायी वांटो आडावपाक, सुरवातीसावन निमणेमेरेन सगळ्याक सगंणकांच्या आदारान म्हायती आनी संपर्क तंत्रगिन्यानाचो वापर करचो.

(क) ह्या कायद्याखाला लाबाची उचीत मोख साध्य करपाखातीर हकदार लाभार्थ्यांचे बायोमेट्रीक म्हायतीसयत, वेगळे वळखी खातीर आधार कार्डाचो वापर करचो.

(ड) नोंदीसंदर्भात पुराय पारदर्शकताय.

(इ) सवाय धान्य दुकानांचे परवाने आनी बायलो वा तांच्या गटांकडल्यान सवाय धान्य दुकानांचें व्यवस्थापन करपाक भौशीक संस्था वा पंचायती, आप मजत गट, सहकार अशे तरेच्या भौशीक संस्थांक प्राधान्य दिवचें.

(फ) कांय काळा उपरांत मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थे वरवीं पुरवण जावपी वस्तूंभितर विवीधताय हाडप.

(ज) थळाव्या भौशीक वितरणाक आनी धान्य बँकांक आदार.

(ह) केंद्र सरकारान निर्धारीत केल्ल्या वाठारांनी आनी पद्दतीन, मोखीक लाभार्थ्यांक प्रकरण 2 मदल्या तांच्या हक्काप्रमाण अन्नदान्य मेळ्ळां हाची खात्री करपाक दुडू हस्तांतरण, खाद्य कुपना सारक्यो येवजणो वा हेर तरेच्यो येवजण्यो सुरू करप.

## प्रकरण VI

## बायल सशक्तीकरण

रेशन काडहजारी करपाच्या उद्देशाखातीर, अठरा वर्सां वा ताचे परस चड पिराय आशिल्ली बायल कुटूंबाची मुखेली आसतली.

**13.** (1) रेशन कार्ड जारी करपाच्या उद्देशाखातीर, दर एका पात्र कुटुंबांतली अठरा वर्सां परस चड पिराय आशिल्ली सगळ्यांत ज्येश्ट बायल कुटूंबाची मुखेली आसतली.

(2) एखाद्र्या कुटुंबांत बायल मनीस नासल्यार वा अठरा वर्सां वा ताचे परस चड पिरायेची बायल मनीस नासल्यार, पूण अठरा वर्सांपरस कमी पिरायेची बायल सदस्य आसल्यार, रेशन कार्ड जारी करपाच्या उद्देशाखातीर त्या कुटुंबांतलो ज्येश्ट दादलो कुटूंब प्रमूख आसतलो आनी त्या बायल सदस्यान पिरायेचीं अठरा वर्सां पुराय केल्या उपरांत रेशन कार्डाखातीर त्या दादलो कुटूंब प्रमूखाच्या बदला ती कुटूंब प्रमूख आसतली.

## प्रकरण VII

## कागाळ निवारण यंत्रणा

आंतरीक कागाळ निवारण यंत्रणा

**14.** कॉल सेंटर्स, हेल्पलाईन्स, अधिकृत नोडल अधिकारी वा अशे पद्दतीचे निर्धारीत यंत्रणांचो आसपाव आशिल्ली एक आंतरीक कागाळ निवारण यंत्रणा राज्य सरकारान सुरू करपाक जाय.

जिल्लो कागाळ निवारण अधिकारी

**15.** (1) ह्या कायद्याखालच्या हक्कांची अंमलबजावणी आनी अवेस्वर 2 वरवीं मेळपी हक्काचें अन्नधान्य वा जेवणा संदभाहल्या प्रकरणांविशीं पिडीत व्यक्तीचे कागाळीचें ताकतिकेन आनी कायद्यमरित्या निवारण करपाक राज्य सरकारान दर एका जिल्ल्यांत जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याची नेमणूक करची.

(2) जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याचे नेमणुकेखातीरची शिक्षणीक पात्रताय आनी तांचे अधिकार राज्य सरकारान निधाहीत करपाक जाय.

(3) जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याचे नेमणुकेची पद्दत आनी नेम आनी अटी राज्य सरकारान निधाहीत करपाक जाय.

(4) जिल्लो कागाळ निवारण अधिकारी आनी हेर कमह्याऱ्यांचो पगार आनी भत्तो आनी तांच्या योग्य कायाह्यातीर गरजेचो आशिल्लो हेर खचहराज्य सरकारान दिवपाक जाय.

(5) उपकलम (1) हातूंत संदर्भ आशिल्ल्या अधिकाऱ्यान हक्काचें अन्नधान्य वा जेवणाची पुरवण न जाल्ल्या संदर्भातल्यो कागाळी आयकुपाक जाय आनी तांचें निवारण करपाखातीर राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ले पद्दतीन आनी काळाभितर योग्य तीं पावलां उबारपाक जाय.

(6) उपकलम (1) हातूंत संदर्भ आशिल्ल्या अधिकाऱ्यान खंयच्याय कागाळ करप्याआड वा अधिकारी वा प्राधिकारिणीआड आदेश जारी केल्या उपरांत जर कोणूय कागाळ निवारणेसंबंदान समाधानी नासल्यार तांणी अशा आदेशाआड राज्य आयोगाकडेन याचिका दाखल करची.

(7) उप कलम (6) वरवीं दाखल जावपी दर एक याचिका राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ले पद्दतीन आनी निर्धारीत वेळाभितर सादर करपाक जाय.

राज्य अन्न आयोग

**16.** (1) ह्या कायद्याची देखरेख आनी नियाळ करपाखातीर दर एका राज्य सरकारान अधिसुचोवणेवरवीं राज्य अन्न आयोग स्थापन करपाक जाय.

(2) राज्य आयोगाभितर हांचो आसपाव आसपाक जाय –

(अ) अध्यक्ष

(ब) पांच हेर वांगडी आनी

(क) सदस्य–सचिव, जो राज्य सरकाराचो अधिकारी आसतलो आनी तो सरकाराच्या जोड सचिव पदाचे श्रेणी परस कमी आसूंक फावना.

अटीप्रमाण अध्यक्ष, वांगडी वा सदस्य सचिव म्हूण किमान दोन बायलो आसपाक जाय.

मुखार अटीप्रमाण अध्यक्ष, वांगडी वा सदस्य सचिव म्हूण अनुसुचीत जातींतली एक व्यक्ती आनी अनुसुचीत जमातींतले एके व्यक्तीचो आसपाव आसपाक जाय.

(3) अध्यक्ष आनी हेर वांगड्यांची ह्या व्यक्तींमदल्यान नियुक्ती जावपाक जाय–

(अ) शेती, नागरी पुरवण, पोशण, भलायकी वा खंयच्याय तत्सम क्षेत्रांत अन्न सुरक्षा, धोरण आंखणी वा प्रशासना संबंदी गिन्यान वा अणभव आशिल्ली अखिल भारतीय सेवेचो वांगडी वा संघराज्य वा राज्याचे

नागरी सेवेंतली वा संघराज्य वा राज्याचे नागरी सेवेंत नागरी पदाचो ताबो आशिल्ली व्यक्ती.

(ब) शेती, कायदो, मानवी हक्क, सामाजिक सेवा, वेवस्थापन, पोशण, भलायकी, अन्न धोरण वा सार्वजनीक प्रशासना संबंदान व्यापक गिन्यान आनी अणभव आशिल्ली भौशीक जिणेंत नांवलौकीक आशिल्ली व्यक्ती वा

(क) गरीबांच्या अन्न आनी पोशणा संबंदीच्या अधिकारांत सुदारणा हाडपाक काम केल्ल्याचें सिद्ध केल्ल्याच्यो नोंदी आशिल्ली व्यक्ती.

(4) अध्यक्ष आनी दर एका हेर वांगड्यान कार्यालयाचो ताबो घेतिल्ल्या दिसासावन पांच वर्सांपरस चड काळाखातीर कार्यालयाचो ताबो घेवपाक जायना आनी ह्यो व्यक्ती फेरनियुक्तीखातीर पात्र आसतल्यो.

अटीप्रमाण अध्यक्ष वा हेर वांगड्यान पिरायेचीं पासश्ट वर्सां पुराय जाल्या उपरांत आपल्या कार्यालयाचो ताबो घेवपाक जायना.

(5) राज्य आयोगाचे अध्यक्ष, हेर वांगडी आनी सदस्य सचिवांचे नियुक्तीची पद्धत आनी हेर नेम आनी अटी आनी राज्य आयोगाच्या बसकेची वेळ, थळ आनी कार्यपद्दत (अशा बसकांच्या कोरमाच्या आसवापासयत) आनी तांचे अधिकार राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ले प्रमाण आसपाक जाय.

(6) राज्य आयोगान सकयल दिल्लीं कार्यां हातांत घेवपाक जाय, देखीक–

(अ) राज्याच्या संबंदान ह्या कायद्याचे अंमलबजावणीची देखरेख आनी मोलांकन.

(ब) प्रकरण 2 हातूंतल्या हक्कांच्या अतिक्रमणाआड सुओ मोटो वा कागाळी उपरांत ताची चवकशी.

(क) ह्या कायद्याचे प्रभावकारी अंमलबजावणेखातीर राज्य सरकाराक सल्लो दिवप.

(ड) ह्या कायद्यात निर्धारीत केल्ले हक्क दर एके व्यक्तीक मेळचे म्हूण अन्न आनी पोशण संबंदांतल्या येवजण्यांचे प्रभावकारी अंमलबजावणेखातीर, ह्यो सेवा दिवपी राज्य सरकार, तांच्यो संस्था, स्वायत्त संस्था तशेंच बिगर सरकारी संस्थांक सल्लो दिवप.

(इ) जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याच्या आदेशाआडच्या याचिकांचेर सुनावणी घेवप.

(फ) राज्य सरकारावतीन विधानसभेंत सादर जावपी वर्सुकी अहवाल तयार करप.

(7) राज्य आयोगाच्या कार्यक्षम वावराखातीर राज्य सरकारान गरजेचो प्रशासकीय आनी तंत्रीक कर्मचारी वर्ग राज्य आयोगाक उपलब्ध करपाक जाय.

(8) उप कलम (7) प्रमाण जावपी कर्मचाऱ्यांची नेमणूक पद्दत, तांचो पगार, भत्तो आनी सेवेसंदर्भातल्यो अटी राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ले प्रमाण आसपाक जाय.

(9) राज्य सरकार अध्यक्ष वा खंयच्याय वांगड्याक कार्यालयांतल्यान भायर काडूंक शकता, जे कोण–

(अ) खंयच्याय वेळार दिवाळखोर म्हूण निर्णय दिला; वा

(ब) वांगडी म्हूण शारिरीक आनी मानसीक नदरेन असमर्थ थरल्यार; वा

(क) राज्य सरकाराच्या मताप्रमाण नितीक अधीमताय आशिल्ल्या अपराधांत दोशी थरयल्यार; वा

(ड) वांगडी म्हूण प्रतिकूल थारपा सारके आर्थिक वा हेर कसलेय तरेचे हितसंबंध प्राप्त केल्ले आसल्यार; वा

(इ) आपल्या पदाचो अशे तरेन गैरवापर केला जाका लागून ताचें भौशीक हिताखातीर कार्यालयांत रावप हानीकारक थरू येता.

(10) उपकलम (9) च्या उपवाक्य (ड) वा उपवाक्य (ई) वरवीं अशा खंयच्याच अध्यक्ष वा वांगड्याक संबंदीत प्रकरणाविशीं ताचें म्हणणें आयकून घेवपाखातीर फावोशी संद दिल्याबगर काडून उडोवपाक मेळचें ना.

राज्य अन्न आयोगाचे अध्यक्ष,वांगडी, सदस्य सचिव आनी हेर कर्मचाऱ्यांचो पगार आनी भत्तो

**17.** राज्य आयोगाचें कार्य सुयोग्य रितीन चलोवपाक राज्य सरकारान अध्यक्ष, हेर वांगडी, सदस्य सचिव, सहकारी कर्मचाऱ्यांचो पगार आनी भत्तो आनी हेर प्रशासकीय खर्च दिवपाक जाय.

राज्य अन्न आयोग म्हण काम करपाखातीर खंयच्याय आयोगाची वा मंडळाची नेमणूक

**18.** कलम 16 त नमूद केल्ले राज्य आयोगाचे अधिकार आनी कार्यां आचरणांत हाडपाखातीर राज्य सरकारान गरज दिसल्यार अधिसुचोवणेवरवीं खंयचोय संविधीक आयोग वा मंडळ नियुक्त करपाक जाय.

जोड राज्य अन्न अयोग

**19.** कलम 16 च्या उपकलम (1) प्रमाण कांय नासलें तरी लेगीत केंद्र सरकारच्या मान्यतायेन ह्या कायद्याचो उद्देश पुराय करपाखातीर दोन वा ताचेपरस चड राज्यां जोड राज्य अन्न अयोग स्थापन करूंक शकता.

चवकशी संदर्भातले अधिकार

**20.** (1) कलम 16 च्या उप कलम (6) च्या उपवाक्य (ब) व (इ) मदल्या खंयच्याय प्रकरणाची चवकशी करतना, नागरी संहिता प्रक्रीया 1908 खाला दावो सादर करतना दिवाणी न्यायालयाचे सगळे अधिकार आसात आनी विशेश करून सकयल दिल्ल्या प्रकरणा संदर्भात, देखीक – 1908 चे 5

(अ) खंयचेय व्यक्तीक न्यायीक आपोवणें धाडून सक्तीन हाजीर रावपाक सांगप आनी सोपूत घेवपाक लावन ताची चवकशी करप.

(ब) खंयचोय दस्ताऐवज सोदून काडून तो प्रस्तूत करप.

(क) प्रतिज्ञापत्रावरवीं पुरावे प्राप्त करप.

(ड) खंयचेंय न्यायालय वा कार्यालयांतल्यान भौशीक नोंदी वा प्रती मागोवन घेवप; आनी

(इ) गवाय आनी दस्ताऐवज तपासणेखातीर राजादेश जारी करप.

(2) खटलो चलोवपाक समान कार्यकक्षा आशिल्ल्या न्यायदंडाधिकाऱ्याकडेन खंयचेंय प्रकरण धाडपाचो अधिकार राज्य आयोगाक आसतलो आनी ज्या न्यायदंडाधिकाऱ्याकडेन अशें प्रकरण धाडलां तांणी फौजदारी दंड संहिता, 1973 च्या कलम 346 वरवीं प्रकरण धाडिल्लें आसल्यार, आरोपी आडचे कागाळीचेर सुनावणी घेवपाक चालू करपाक जाय. 1974 चे 2

रित्यो सुवातो, आदीं, खातीर राज्य आयोगाचें कामकाज अवैद्य थारावप ना

**21.** राज्य आयोगाचो खंयचोय कायदो वा कामकाज फकत ह्या कारणांखातीर अवैद्य जांव नजो –

(अ) राज्य आयोगांतली खंयचीय रिती सुवात, वा संविधानांतलो खंयचोय दोश; वा

(ब) राज्य आयोगाचे अध्यक्ष वा वांगडी व्यक्तीच्या नेमणुकेंत खंयचोय दोश; वा

(क) खटल्याच्या योग्यतायेचेर परिणाम न करता राज्य आयोगाच्या कार्यपद्दतींत कसलेय तरेचीं अनियमितपणां.

## प्रकरण VIII
## अन्न सुरक्षेखातीर केंद्र सरकाराची लागणूक

केंद्र सरकारान, मध्यवर्ती एकठावीत वर्गातल्यान, राज्य सरकारांक गरजेच्या प्रमाणांत अन्नधान्याचें वांटप करपाक जाय.

**22.** (1) पात्र कुटुंबांतल्या व्यक्तींक नियमीतपणान अन्नधान्याचें वितरण जाता हाची खात्री करपाक, कलम 3 त स्पश्ट केल्ल्या हक्काप्रमाण आनी अधिसुचोवणी 1 हातूंत निर्धारीत केल्ल्या दरा प्रमाण, मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेवरवीं केंद्र सरकारान, राज्य सरकारांक मध्यवर्ती एकठावीत वर्गातल्यान गरजेच्या प्रमाणांत अन्नधान्याचें वांटप करपाक जाय.

(2) कलम 10 सकयल दर एका राज्यांत वळख केल्ल्या पात्र कुटुंबांतल्या व्यक्तींच्या संख्येप्रमाण केंद्र सरकारान अन्नधान्याचें वांटप करपाक जाय.

(3) अधिसुचोवणी 1 तल्या पात्र कुटुंबांतल्या व्यक्तींखातीर निर्धारीत केल्ल्या दरा प्रमाण, कलम 4, 5 आनी कलम 6 हातूंत दिल्ल्या हक्काप्रमाण केंद्र सरकारान राज्य सरकारांक अन्नधान्याची पुरवण करपाक जाय.

(4) उप कलम (1) च्या पूर्वग्रहा बगर, केंद्र सरकारान –

(अ) मध्यवर्ती एकठावीत वर्गाखातीर आपल्या स्वतःच्या संस्थांकडल्यान आनी राज्य सरकारां आनी तांच्या संस्थांकडल्यान अन्नधान्य मेळोवपाक जाय.

(ब) राज्यांक अन्नधान्य वांटपाक जाय.

(क) केंद्र सरकारान दर एका राज्यांत थारायिल्ल्या गुदावामेरेन राखून दवरिल्लें अन्नधान्य पावोवपाक परिवहन उपलब्ध करप.

(ड) केंद्र सरकारान निर्धारीत केल्ले नेम आनी पद्दतीक धरून, आंतरराज्य येरादारी, अन्नधान्य हाताळणी आनी सवाय धान्य दुकानकारांक फारीक केल्लो फायदो, ह्या राज्य सरकारान केल्ल्या खर्चाक आदार दिवप; आनी

(इ) वेगवेगळ्या पावंड्यांचेर गरजेप्रमाण अत्याधुनिक आनी विज्ञानीक सांठो सुविधा तयार करप आनी सांबाळप.

**23.** मध्यवर्ती एकठावीत वर्गातल्यान राज्याक अन्नधान्याची उण्या प्रमाणांत पुरवण जाल्यार, केंद्र सरकारान निर्धारीत केल्ल्याप्रमाण प्रकरण 2 तल्या लागणुकेक धरून केंद्र सरकारान अन्नधान्याची उणी पुरवण केल्लेखातीर राज्य सरकाराक निधी उपलब्ध करपाक जाय.

कांय प्रकरणांनी केंद्र सरकारान, राज्य सरकारांक निधी उपलब्ध करपाक जाय

## प्रकरण IX
## अन्न सुरक्षेखातीर राज्य सरकाराची लागणूक

**24.** (1) राज्यांतल्या मोखीक लाभार्थ्यांक अन्न सुरक्षतायेची खात्री दिवपाक, केंद्र सरकारान दर एके येवजणेखातीर आनी तांच्या स्वताच्या येवजण्यांखातीर जारी केल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्याप्रमाण, केंद्र सरकाराच्या वेगवेगळ्या मंत्रालयाच्या आनी खात्यांच्या येवजण्यांची अंमलबजावणी आनी देखरेख दवरपाक राज्य सरकार जापसालदार आसतलें.

अन्न सुरक्षेची खात्री करपाखातीर येवजण्यांची अंमलबजावणी आनी देखरेख

(2) मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेप्रमाण, राज्य सरकाराचें हें कर्तव्य आसतलें–

(अ) अधिसुचोवणी 1 त निर्धारीत केल्ल्या दरा प्रमाण केंद्र सरकारान राज्याखातीर थारायल्ल्या गुदावांतल्यान अन्नधान्य ताब्यांत घेवप, तांच्या अधिकृत संस्थांवरवीं दर एका सवाय धान्य दुकानामेरेन राखून दवरलेल्या अन्नधान्याचें आंतरराज्य वांटप करप आनी

(ब) अधिसुचोवणी 1 त निर्धारीत केल्ल्या दरा प्रमाण हक्कदार व्यक्तीक प्रत्यक्षांत अन्नधान्याची पुरवण वा वितरण जाल्याची खात्री करप.

(3) कलम 4, 5 आनी कलम 6 मदल्या हक्काप्रमाण, गरजेच्या अन्नधान्याची, अधिसुचोवणी 1 त निर्धारीत केल्ल्या दरा प्रमाण पात्र कुटुंबांतल्या व्यक्तींक, राज्यातल्या केंद्र सरकाराच्या अधिकृत गुदावांतल्यान अन्नधान्य वितरीत करपाची जापसालदारकी, राज्य सरकाराची आसतली आनी वयल्या कलमाप्रमाण प्रत्यक्षांत वितरण जाल्ल्याची खात्री करून घेवप.

(4) प्रकरण 2 तल्या पात्र व्यक्तींक तांच्या हक्काप्रमाण अन्नधान्य वा जेवणाची पुरवण जाली ना जाल्यार, कलम 8 त निर्धारीत केल्ले प्रमाण अन्न सुरक्षा भत्तो दिवपाची जापसालदारकी राज्य सरकाराची आसतली.

(5) मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेच्या कार्यक्षम कृतीखातीर दर एका राज्याक–

(अ) मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेखाला जाय तितलें अन्नधान्य आसपावन घेवपाखातीर, राज्य, जिल्लो आनी गट पावंड्याचेर विज्ञानीक सांठो सुविधा तयार करप आनी ताची देखरेख करप आनी अन्न बाबतींतल्यो हेर कल्याणकारी येवजण्यो.

(ब) तांच्या अन्न आनी नागरी पुरवण महामंडळांची आनी हेर अधिकृत संस्थांची योग्य क्षमताय घटमूट करप.

(क) वेळावेळार दुरूस्त केल्ल्या जीवनावश्यक वस्तू कायदो, 1955 सकयल तजवीज केल्ल्या भौशीक वितरण वेवस्था (नियंत्रण) आदेश, 2001 प्रमाण सवाय धान्य दुकानांखातीर संस्थात्मक परवानो वेवस्था स्थापन करप.

1955 चे 10

**प्रकरण X**

थळाव्या अधिकारिणींची लागणूक

मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेची थळाव्या अधिकारिणीवरवीं ताच्या वाठारांत अंमलबजावणी

**25.** (1) आपल्या संबंदीत वाठारांनी ह्या कायद्याची योग्य अंमलबजावणी करपाची जापसालदारकी थळाव्या अधिकारिणीची आसतली.

(2) उपकलम (1) च्या पूर्वग्रहा बगर, राज्य सरकार, अधिसुचोवणी जारी करून मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेच्या अंमलबजावणेची अतिरिक्त जापसालदारकी थळाव्या अधिकारिणीचेर सोंपोवपाक शकता.

थळाव्या अधिकारिणीची लागणूक

26. ह्या कायद्यातल्या तरतुदींची अंमलबजावणी करपाखातीर तयार केल्ल्या केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या खात्याच्या आनी मंत्रालयाच्या वेगवेगळ्या येवजण्यांच्या अंमलबजावणेखातीर, संबंदीत राज्य सरकार अधिसुचोवणी जारी करून तांकां नेमून दिल्लीं कर्तव्यां आनी जापसालदारकी निभावपाक थळावी अधिकारिणी जापसालदार आसतली.

## प्रकरण XI
## पारदर्शकताय आनी जबाबदारी

मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेच्या नोंदींची परगटावणी

**27.** राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ले प्रमाण मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थे संबंदांतल्यो सगळ्यो नोंदी राज्य सरकारान थारायल्ले पद्दतीन भौशीक संकेतस्थळार प्रदर्शित करून निरिक्षण करपाक जनतेखातीर उपलब्ध करपाक जाय.

सामाजीक लेखा परिक्षणाचें आयोजन

**28**. (1) सवाय धान्य दुकान, मोखीक भौशीक वितरण वेवस्था आनी हेर कल्याणकारी येवजण्यांच्या वावराचें समयीक सामाजीक लेखापरिक्षणाचें आयोजन राज्य सरकारान अधिकृत केल्ल्या दर एका थळाव्या अधिकारिणीन वा खंयची हेर वा मंडळान करपाक जाय आनी ताच्या निश्कर्शांची राज्य सरकारान थारायल्ले पध्दतीप्रमाण प्रसिध्दी करून योग्य तीं पावलां उबारपाक जाय.

(2) गरज दिसल्यार केंद्र सरकारान अशा तरेचें लेखापरिक्षण स्वतंत्र अणभवी संस्थांच्या वतीन सामाजीक लेखा परिक्षण आयोजीत वा ताचें आयोजन करूं येता.

सतर्कताय समितींची स्थापना

**29**. (1) मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेंतली पारदर्शकताय आनी योग्य कार्यपद्दतीची खात्री करपाखातीर आनी हे वेवस्थेंतल्या कार्यांचे जबाबदारेखातीर, दर एका राज्य सरकारान, वेळावेळार दुरुस्त केल्ल्याप्रमाण जिवनावश्यक वस्तू कायदो, 1955 वरवीं मोखीक भौशीक वितरण वेवस्था (नियंत्रण) आदेश, 2001 त थारायिल्ल्या प्रमाण राज्य, जिल्लो, गट आनी सवाय धान्य दुकान पावंड्याचेर सतर्कताय समिती स्थापन करपाक जाय आनी तातूंत राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ले प्रमाण थळावी अधिकारीणी, अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती, बायलो आनी अनाथ व्यक्ती वा अपंगूळ व्यक्तींक प्रतिनिधीत्व दिवपाक जाय. 1955 चे 10

(2) सतर्कताय समिती सकयल दिल्लीं कार्यां सांबाळटली, देखीक-

(अ) ह्या कायद्याखाला येवपी सगळ्या येवजण्यांच्या अंमलबजावणेचेर नियमित देखरेख दवरतली.

(ब) ह्या कायद्यातल्या तरतुदींचें खंयच्याय प्रकारान उल्लंघन जाल्यार तेविशीं जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याक लिखीत स्वरूपांत कळयतली.

(क) समितीक कसल्याय प्रकारचो गैरवेव्हार वा अफरातफर दिसून आयल्यार तेविशीं जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याक लिखीत स्वरूपांत कळयतली.

## प्रकरण XII

## अन्न सुरक्षा अत्याधुनीक करपाखातीर तरतुदी

पयसुल्ले, दोंगराळ आनी जमात वाठारांनी रावपी लोकांक अन्न सुरक्षा

**30.** ह्या कायद्याचे तरतुदीची आनी येवजण्यांनी निर्धारीत केल्ल्या हक्कांची अंमलबजावणी करतना केंद्र सरकार आनी राज्य सरकारान, समाजाच्या असुरक्षीत घटकांच्या गरजांचेर, चड करून पयसुल्ले वाठार आनी प्रवेश करपाक कठीण वाठार, डोंगरावेले आनी जमात वाठारांतल्या अन्न सुरक्षेची खात्री करपाचेर चड लक्ष केंद्रीत करपाक जाय.

अन्न आनी पुश्टीक सुरक्षा आनीक फुडें व्हरपाखातीर यत्न

**31.** केंद्र सरकार, राज्य सरकार आनी थळाव्या अधिकारीणींनी अन्न आनी पोशण सुरक्षा अत्याधुनीक करपाचो हेतू पुराय करपाक, अधिसुचावणी 3 त निर्धारीत केल्लीं उद्दिश्टां साध्य करपाखातीर प्रगतीशील यत्न करपाक जाय.

## प्रकरण XIII

## हेर

हेर कल्याणकारी येवजण्यो

**32.** (1) केंद्र सरकार वा राज्य सरकाराक अन्ना विशींच्यो हेर कल्याणकारी येवजण्यो मुखार चालू दवरपाक वा तयार करपाक ह्या कायद्यांतल्यो तरतुदी आडावपाक शकना.

(2) ह्या कायद्याप्रमाण नासलें तरी लेगीत, राज्य सरकार आपल्या स्वतःच्या स्त्रोतावरवीं, ह्या कायद्यांत तजवीज केल्ल्या लाभापरस चड लाभ दिवपी अन्न वा पोशणा संबंदींतले आराखडे वा येवजण्यो चालू दवरपाक शकता वा नव्यो तयार करपाक शकता.

दंड

**33.** खंयच्याय कागाळीचेर वा याचिकेचेर निणय घेतना, जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्यान थाकाय दिवपाची केल्ली शिफारस उचीत कारण न दिता उपलब्ध करून दिवपाक अपेसी थारप वा अशे तरेची शिफारस मुद्दाम टाळप ह्या सारख्या प्रकरणांनी खंयचोय सरकारी कमचारी वा अधिकारिणी दोशी म्हण दिसून आयल्यार ताका पांच हजार रुपयामेरेन दंड जावपाक शकता.

अटीप्रमाण खंयचोय दंड दिवचे पयलीं सरकारी कर्मचारी वा सरकारी अधिकारिणीक, प्रकरणाप्रमाण, ताचें म्हणणें आयकून घेवपाची फावोशी संद दितले.

**34.** (1) कलम 33 खाला दंड दिवपाचेर निर्णय घेवपाक, राज्य आयोगान, कसलेय तरेचो दंड दिवपाखातीर संबंदीत व्यक्तीचें म्हणणें आयकून घेतल्या उपरांत ताची निर्धारीत तरेन चवकशी करपाखातीर आपल्याच एका वांगड्याची अधिकृत न्यायनिवाडो अधिकारी म्हूण नेमणूक करपाक जाय. न्यायनिर्णय करपाचे अधिकार

(2) चवकशी चालू आसताना प्रकरणाविशींचीं तथ्यां आनी परिस्थिती संबंदान पुरावे वा दस्तऐवज, जे अधिकृत अधिकाऱ्याच्या मतान संबंदीत प्रकरणाची चवकशी करपाक उपेगी थारतले, ते सादर करपाक प्रकरणाकडेन परिचीत आशिल्ले व्यक्तीक समन्स धाडपाक आनी हाजीर रावपाक सांगपाचे अधिकार अधिकृत अधिकाऱ्याक आसतले. अशे तरेच्या चवकशे वेळार, जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्यान थाकाय दिवपाची केल्ली शिफारस उचीत कारण न दिता उपलब्ध करून दिवपाक संबंदीत व्यक्ती अपेसी थारल्या वा तांणी अशे तरेची शिफारस मुद्दाम टाळ्ळ्या अशें दिसून आयल्यार, कलम 33 तल्या तजवीजे प्रमाण अधिकृत अधिकारी ताका दिसता तो उचीत दंड दिवपाक शकता.

**35.** (1) अशा तरेच्या परिस्थितींत आनी अटी आनी मर्यादांक धरून केंद्र सरकार जे अधिकार वापरतात (नेम तयार करपाच्या अधिकारा व्यतिरिक्त) तेच अधिकार, अधिसुचोवणेंत नमूद केल्ल्या प्रमाण, राज्य सरकार वा केंद्र सरकार वा राज्य सरकारांतलो कनिश्ट अधिकारी आचरणांत हाडपाक शकता अशे निर्देश दिवपाक शकता. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या प्रतिनिधींक अधिकार

(2) अशा तरेच्या परिस्थितींत आनी अटी आनी मर्यादांक धरून राज्य सरकार जे अधिकार वापरतात (नेम तयार करपाच्या अधिकारा व्यतिरिक्त) तेच अधिकार, अधिसुचोवणेंत नमूद केल्ल्या प्रमाण, राज्य सरकारांतलो कनिश्ट अधिकारी आचरणांत हाडपाक शकता अशे निर्देश दिवपाक शकता.

**36.** ह्या कायद्यांत वा येवजण्यांतल्या तरतुदींचेर ताचेपरस विसंगत आशिल्लो चालंत कायदो वा अशा कायद्याक लागून परिणाम जाल्ल्या साधनांचो आसपाव आसून लेगीत परिणाम जावं येता. अधिभावी प्रभाव हाडपाखातीर कायदो

**37.** (1) जर केंद्र सरकाराक गरजेचें वा उपेगी म्हण समादान जालें जाल्यार, अधिसुचोवणेवरवीं अधिसुची 1 वा अधिसुची 2 वा अधिसुची 3 वा अधिसुची अधिसुचींत दुरूस्ती करपाक अधिकार

4 ची दुरूस्ती आनी ते उपरांत, विशयाप्रमाण, अधिसुची 1 वा अधिसुची 2 वा अधिसुची 3 वा अधिसुची 4 ची योग्य तशी दुरूस्ती जातली.

(2) उपकलम (1) खाला जारी केल्ल्या दर एका अधिसुचोवणेची प्रत, अधिसुचोवणी जारी केल्या उपरांत बेगिनांत बेगीन संसदेच्या दर एका सभाघरामुखार सादर करपाक जाय.

सुचना दिवपाखातीर केंद्र सरकाराक अधिकार

**38.** ह्या कायद्यांतल्या तरतुदींची राज्य सरकारकडल्यान प्रभावशाली अंमलबजावणी जावची म्हण केंद्र सरकारान वेळावेळार, गरज दिसता तेन्ना अशे तरेच्यो सुचोवण्यो दिवपाक जाय आनी राज्य सरकारान अशा सुचोवण्यांचें पालन करपाक जाय.

नेम तयार करपाखातीर केंद्र सरकाराक अधिकार

**39.** (1) केंद्र सरकारान, राज्य सरकाराकडेन सल्लो मसलत करून आनी अधिसुचोवणेवरवीं ह्या कायद्यांतल्या तरतुदीखातीर नेम तयार करूं येता.

(2) खास करून आनी मातशे आदीं तयार केल्ल्या सर्वसामान्य अधिकारांच्या पुर्वग्रहाबगर, सकयल दिल्ल्या सगळ्या वा कांय प्रकरणांक हे नेम लागू करूं येता, देखीकः-

(अ) कलम 4 च्या उपवाक्य (ब) सकयल गुरवार बायलांक आनी स्तनपान करपी आवयांक बाळंटेर लाबाची पुरवण करपाखातीर कॉस्ट शेअरींगाचो आसपाव आशिल्ली येवजण.

(ब) कलम 7 सकयल कॉस्ट शेअरींग धरून कलम 4, 5 आनी कलम 6 सकयल अधिकारप्राप्त सवलती दिवपी येवजण्यो.

(क) कलम 8 सकयल पात्र व्यक्तींक प्रमाण, वेळ आनी अन्न सुरक्षा भत्तो दिवपाची पद्दत.

(ड) कलम 12 च्या उप कलम (2) च्या उपवाक्य (एच) सकयल नमूद केल्ले पद्दतीप्रमाण आनी वाठारांनी मोखीक लाभार्थ्यांक तांच्या हक्काप्रमाण अन्नधान्य प्राप्तीची खात्री करपाखातीर नकद हस्तांतरण, अन्न कुपन्स वा हेर येवजण्यो चालू करप.

(इ) कलम 22 च्या उप कलम (4) च्या उपवाक्य ( ड) सकयल राज्य सरकाराक जो खर्च करता ताका सहाय्य करपाखातीरचे नेम आनी पद्दत.

(फ) कलम 23 सकयल अन्नधान्याची उणी पुरवण जाल्यार, केंद्र सरकारान राज्य सरकाराक निधीची पुरवण करपाची पद्दत.

(ज) निर्धारीत जाल्लें वा जावं येता अशें खंयचेंय हेर प्रकरण वा जाका लागून केंद्र सरकार नेमाप्रमाण तजवीज करूं येता अशें प्रकरण.

(3) ह्या कायद्यासकयल केंद्र सरकारान तयार केल्लो दर एक नेम, तयार केल्या उपरांत बेगिनांत बेगीन, अधिवेशन सुरू आसतना, वट्ट तीस दिसांखातीर जातूंत संसदेच्या दर एका सभाघरांत, एका अधिवेशनांत वा दोन वा फाटोफाट त्यापरस चड अधिवेशनांनी सादर करपाक जाय आनी, अधिवेशन सोंपल्या उपरांत रोकडेंच जावपी, येता त्या अधिवेशनांत वा त्या उपरांतच्या अधिवेशनांत, नेमांच्या खंयच्याय सुदारणेविशीं दोनूय सभाघरां सहमत जाल्यार वा नेम करप ना हाचेर दोनूय सभाघरां सहमत जाल्यार, ते उपरांत प्रकरणा प्रमाण, फकत सुदारीत नेम कार्यान्वित जातले वा ताचो परिणाम जावंचो ना. पूण अशे तरेच्यो सुदारणा वा रद्दकरणी त्या नेमा खाला आदीं केल्ल्या कसल्याय वैधतायेच्या पूर्वग्रहाबगर आसतल्यो.

नेम तयार करपाखातीर राज्य सरकाराक अधिकार

**40.** (1) ह्या कायद्यांतल्यो तरतुदी पुराय करपाखातीर, राज्य सरकार अधिसुचोवणेवरवीं, आनी आदल्या उजवाडावणेंतल्या अटीं प्रमाण, आनी ह्या कायद्याक आनी केंद्र सरकारान तयार केल्ल्या नेमांक सुसंगत अशे नेम तयार करपाक शकता.

(2) खास करून आनी मातशे आदीं तयार केल्ल्या सर्वसामान्य अधिकारांच्या पुर्वग्रहाबगर, सकयल दिल्ल्या सगळ्या वा कांय प्रकरणांक हे नेम लागू करूं येता, देखीकः-

(अ) कलम 10 च्या उप कलम (1) सकयलीं प्राध्यान्य कुटुंबांची वळख करपाखातीर मार्गदर्शी सुचोवण्यो.

(ब) कलम 14 खाला आंतरीक कागाळ निवारण यंत्रणा.

(क) कलम 15 च्या उप कलम (2) सकयल जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याचे नियुक्तेखातीर शिक्षणिक पात्रताय आनी ताचे अधिकार.

(ड) कलम 15 च्या उप कलम (3) सकयल जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्याचे नियुक्तेखातीर पद्दत आनी नेम आनी अटी.

(इ) कलम 15 च्या उप कलम (5) आनी (7) सकयल जिल्लो कागाळ निवारण अधिकाऱ्यावरवीं कागाळेचेर सुनावणी आनी याचिका दाखल करपाखातीर पद्दत आनी वेळ-मर्यादा.

(फ) कलम 16 च्या उप कलम (5) सकयल जावपी राज्य आयोगाचे अध्यक्ष, हेर वांगडी आनी वांगडी सचिवाचे नियुक्तेची पद्दत आनी नियुक्तेखातीरचे नेम आनी अटी, आयोगाच्या बसकांची कार्यपद्दत आनी तांचे अधिकार.

(ज) कलम 16 च्या उप कलम (8) सकयल राज्य आयोगाच्या कर्मचाऱ्यांच्या नियुक्तीची पद्दत, तांचो पगार, भत्तो आनी सेवेच्यो अटी.

(एच) कलम 27 सकयल मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थेसंदर्भातल्यो नोंदी भौशीक संकेतस्थळार उपलब्ध करप आनी लोकांच्या निरीक्षणाखातीर उत्की दवरपाची पद्दत.

(आय) कलम 28 सकयल सवाय धान्य दुकानां, मोखीक भौशीक वितरण वेवस्था आनी हेर कल्याणकारी येवजण्यांच्या वावराचें सामाजीक लेखापरिक्षण करपाची पद्दत.

(जे) कलम 29 च्या उप कलम (1) खाला सतर्कताय समितीची रचणूक.

(के) कलम 43 सकयल संस्थात्मक यंत्रणेचो वापर करपाखातीर केंद्र सरकार वा राज्य सरकारांच्यो येवजण्यो वा कार्यावळी.

(एल) निर्धारीत जाल्लें वा जावं येता अशें खंयचेंय हेर प्रकरण वा जाका लागून राज्य सरकार नेमाप्रमाण तजवीज करूंक शकता अशें प्रकरण.

(3) ह्या कायद्यासकयल राज्य सरकारान तयार केल्लो वा जारी केल्लो दर एक नेम, अधिसुचोवणी आनी मार्गदर्शी सुचोवण्यो, तयार केल्या उपरांत वा जारी केल्या उपरांत बेगिनांत बेगीन, जंय राज्य विधानसभेचीं दोन सभाघरां आसात थंय दोनूय सभाघरां मुखार आनी जंय राज्य विधानसभेचें एकूच सभाघर आसा थंय त्या सभाघरामुखार सादर करपाक जाय.

येवजण्यो, मार्गदर्शक सुचोवण्यो, आदी खातीर खिणयाळी तरतूदी

**41.** ह्या कायद्याच्या सुरवातेच्या तारखेसावन कार्यरत आशिल्ल्यो येवजण्यो, मार्गदर्शी सुचोवण्यो, आदेश आनी अन्नाचो दर्जो, कागाळ निवारण यंत्रणा, सतर्कताय समित्यो, मुखारूय कार्यरत आसतल्यो आनी जो मेरेन येवजण्यो, मार्गदर्शी सुचोवण्यो, आदेश आनी अन्नाचो दर्जो, कागाळ निवारण यंत्रणा, सतर्कताय समित्यो ह्या कायद्याखाला वा ताचे सकयल तयार केल्ल्या नेमा प्रमाण निर्धारीत वा अधिसूचीत जायना तोमेरेन कार्यरत उरतल्यो.

अटीप्रमाण संबंदीत येवजण्यो, मार्गदर्शी सुचोवण्यो, आदेश आनी अन्नाचो दर्जो, कागाळ निवारण यंत्रणा, वा सतर्कताय समित्या वरवीं कितेंय केल्यार वा खंयचीय कारवाय जाल्यार तें मान्य जातलें वा तें ह्या कायद्याच्या संबंदीत तजवीजे खाला घेतले आनी जोमेरेन ह्या कायद्या सकयल खंयचेय कृतीचें वा कारवायेचें अधिक्रमण जायना तोमेरेन ती चालू उरतली.

**42.** (1) ह्या कायद्यांतल्या तरतुदींसंबंदीत कसलीय अडचण उप्रासली जाल्यार, केंद्र सरकार राजपत्रांत प्रसिध्द जावपी आदेशावरवीं, अडचण पयस करपाक, ह्या कायद्यांतल्या तरतुदींभितर विसंगती हाडिनासतना, गरजेच्यो आनी उपयुक्त अश्यो तरतुदी तयार करतलें. अडचणी पयस करपाक अधिकार

ह्या कायद्याची सुरवात जाल्ले तारखेसावन दोन वर्सां पुराय जाल्या उपरांत ह्या कलमाखाला कसलेच आदेश तयार करपाक मेळचे ना ह्या अटीचेर.

(2) ह्या कलमाखाला तयार केल्लो दर एक आदेश, तयार केल्या उपरांत बेगिनांत बेगीन संसदेच्या दर एका सभाघरामुखार सादर करपाक जाय.

**43.** कलम 15 आनी 16 खाला नेमणूक वा रचणूक जावपी अधिकारिणींची सेवा, राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ले प्रमाण, केंद्र सरकार वा राज्य सरकाराच्यो येवजण्यो आनी कार्यावळींची अंमलबजावणी करपाक वापरू येता. हेर उद्देशांखातीर संस्थीय यंत्रणेचो वापर

**44.** ह्या कायद्याखाला पात्र आशिल्ली व्यक्ती, केंद्र सरकार, वा प्रकरणाप्रमाण, राज्य सरकाराकडेन लुकसाण भरपायेखातीर दावो करपाक शकता. पूण झूंज, हुंवार, दुकळ, उजो, वादळ वा भूकंप ह्या सारक्या आपत्तीवेळार, ह्या कायद्यासकयल अशा व्यक्तींक अन्नधान्य वा जेवणाची नियमीत पुरवणेचेर परिणाम जाल्यार तो आडवाद आसतलो.

अटीप्रमाण, केंद्र सरकार, नियोजन आयोगाकडेन सल्लो मसलत करून अशा व्यक्तींक अन्नधान्य वा जेवणाच्या नियमीत पुरवठ्याचेर परिणाम जाल्ल्याचीं प्रकरणां अस्तित्वांत आसा वा जाल्लीं वा ना ते संबंदी घोशणा करपाक शकता.

2013 चो आदेश 7 **45.** (1) राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा अध्यादेश, 2013 असो रद्द केला. काडून उडोवप आनी बचत

(2) रद्दकरणी आसली तरीय लेगीत –

(अ) कितेंय केल्यार, कसलीय कारवाय केल्यार वा पात्र कुटुंबांची खंयचीच वळख केल्यार; वा

(ब) संपादीत, आपवाडीत वा घेतिल्ले खंयचेय अधिकार, अधिकारप्राप्त सवलत, विशेशाधिकार, लागणूक वा जापसालदारकी; वा

(क) तयार केल्ल्यो मार्गदर्शी सुचोवण्यो वा जारी केल्ले आदेश; वा

(ड) पूर्वकथीत खंयचेय अधिकार, अधिकारप्राप्त सवलत, विशेशाधिकार, लागणूक वा जापसालदारके संबंदान सुरू केल्लें, आचरणांत हाडिल्लें वा सतत चालू दवरिल्लें खंयचेंय तपासकाम, चवकशी वा हेर कायदेशीर कामकाज.

(इ) खंयच्याय हेर अपराधाखातीर लागू केल्लो दंड.

संबंदीत अध्यादेशा खाला ह्या कायद्याच्या संबंदीत तरतुदीं सकयल कितेंय केल्यार, घेतल्यार, तयार केल्यार, संपादीत, आपवाडीत, रचयल्यार, जारी केल्यार, सुरवात केल्यार, संचलीत केल्यार, सतत चालू दवरल्यार वा लागू केल्यार मान्य करू येता.

## परिशिश्ट I

(पळय कलम 3(1), 22(1), (3) आनी 24(2), (3))

मोखीक भौशीक वितरण वेवस्थे सकयल अनुदानीत दर (मोल)

कलम 3 खाला पात्र कुटुंबांक हक्कदारीवरवीं, ह्या कायद्याची सुरवात जाल्ल्या तारखेसावन तीन वर्सांच्या काळाखातीर, अनुदानीत दरांत म्हणल्यार, तांदळाक दर किलाक 3 रुपया, गंव दर किलाक दोन रुपया आनी भरडिल्लें धान्य दर किलोक एक रुपया परस कमी दरान मेळटलें आनी ताचे उपरांत केंद्र सरकारान वेळावेळार थारायिल्ल्या दरान, पूण हाचे परस चड आसचें ना –

(1) गंव आनी भरडिल्ल्या धान्याखातीर किमान आधारभूत मोल आनी

(2) तांदळाखातीर उपजत किमान आधारभूत मोल,

जशी बाब आसा तेप्रमाण.

## परिशिश्ट II

(पळय कलम 4 (अ), 5 (1) आनी 6)

पुश्टीक मानक

*पुश्टीक मानकः* एकठावीत बाल विकास सेवा येवजणेवरवीं घरा व्हरपाचें रेशन आनी गरम शिजयल्ल्या जेवणाची पुरवण करपाखातीर 6 म्हयने ते तीन वर्सां, तीन वर्सां ते 6 वर्सां आनी गुरवार बायलो आनी स्तनपान करपी आवयांखातीर पुश्टीक मानक आनी मध्यान्य आहार येवजणेखाला पूर्व प्राथमीक आनी उच्च प्राथमीक शाळांतल्या भुरग्यांखातीर पुश्टीक मानक सकयल दिल्ले प्रमाण आसा :

| क्र. | वर्गवारी | जेवणाचो प्रकार | कॅलरी (किलोकॅलरी) | प्रथीनां (ग्रॅम) |
|---|---|---|---|---|
| 1 | 2 | 3 | 4 | 5 |
| 1. | भुरगीं (6 म्हयने ते 3 वर्सां) | घरा व्हरपाचें रेशन | 500 | 12-15 |
| 2. | भुरगीं (3 ते 6 वर्सां) | सकाळचो नाश्तो आनी गरम शिजयल्लें अन्न | 500 | 12-15 |
| 3. | भुरगीं (6 म्हयने ते 6 वर्सां) जे कुपोशीत आसात | घरा व्हरपाचें रेशन | 800 | 20- 25 |
| 4. | पूर्व प्राथमीक वर्ग | गरम शिजयल्लें अन्न | 450 | 12 |
| 5. | उच्च प्राथमीक वर्ग | गरम शिजयल्लें अन्न | 700 | 20 |
| 6. | गुरवार बायलो आनी स्तनपान करपी आवयो | घरा व्हरपाचें रेशन | 600 | 18-20 |

## परिशिश्ट III

(पळय कलम 31)

अन्न सुरक्षा प्रगतीखातीर तरतुदी

(1) कृषी वेवसायाचें नवचैतन्य-

(अ) ल्हान आनी मध्यम शेतकाऱ्यांचें हीत जपपाखातीर शेतीभूंय संबंदांतले सुदारणेवरवीं उपाय.

(ब) संशोधन आनी उदरगत, विस्तारीत सेवा, अतीसुक्षीम आनी ल्हान शिंपणावळी बरोबरुच शेतींत गुंतवणूक वाडोवप आनी उत्पादकताय आनी उत्पादन वाडोवपाक बळगें.

(क) मोबदलो दिवपी मोल, भरण करपाक प्रवेश, जमीत रक्कम, शिंपणावळ, वीज, पीक विमो, आदीं वरवीं शेतकाऱ्यांक जिविका सुरक्षेची खात्री दिवप.

(ड) अन्न उत्पादनांतल्यान जमीन आनी उदकाच्या अप्रयोजीत फांटो फोडपाचेर प्रतिबंध घालप.

(2) अधिप्राप्ती, सांठोवणी आनी हालचाली संदर्भातले हस्तक्षेप-

(अ) भरडिल्ल्या धान्याच्या अधिप्राप्ती सयत विकेंद्रीकृत अधिकारप्राप्तीक उर्बा दिवप.

(ब) अधिकारप्राप्ती कार्यवाहीचें भुगोलीक विस्तारीकरण.

(क) जाय तितल्या विकेंद्रीकृत आधुनीक आनी शास्त्रीय सांठोवणेंत वाड.

(ड) अन्नधान्याचे येरादारीक पयलीं प्राधान्य दिवप आनी अधिशेश ते उपभोगपी वाठारामेरेन अन्नधान्याची येरादारी करपाक रेल्वे लायनीच्या क्षमतेचो विस्तार करपासयत आवश्यक संख्येन रॅकांची पुरवण करप.

(3) हेर, हाका प्रवेश-

(अ) सुरक्षीत आनी जाय तितलें पिवपाचें उदक आनी नितळसाण.

(ब) भलायकेची काळजी.

(क) पौंगडावस्थेंतल्या चलयांक पुश्टीक, भलायकी आनी शिक्षणीक सहाय्य.

(ड) ज्येश्ट नागरीक, अपंगूळ व्यक्ती आनी एकोडे बायलेक उचीत पेन्शन.

## परिशिश्ट IV

(पळय कलम 3(1))

राज्यांप्रमाण अन्नधान्याची पुरवण

| अ. क्रं. | राज्याचें नांव | मात्रा (लाख टनांत) |
|---|---|---|
| 1 | 2 | 3 |
| 1. | आंध्र प्रदेश | 32.10 |
| 2. | अरुणाचल प्रदेश | 0.89 |
| 3. | आसाम | 16.95 |
| 4. | बिहार | 55.27 |
| 5. | छत्तीसगड | 12.91 |
| 6. | दिल्ली | 5.73 |
| 7. | गोंय | 0.59 |
| 8. | गुजरात | 23.95 |
| 9. | हरीयाणा | 7.95 |
| 10. | हिमाचल प्रदेश | 5.08 |
| 11. | जम्मू आनी काश्मीर | 7.51 |
| 12. | झारखंड | 16.96 |
| 13. | कर्नाटक | 25.56 |
| 14. | केरळ | 14.25 |
| 15. | मध्यप्रदेश | 34.68 |
| 16. | महाराष्ट्र | 45.02 |
| 17. | मणिपूर | 1.51 |
| 18. | मेघालय | 1.76 |
| 19. | मिझोराम | 0.66 |
| 20. | नागालँड | 1.38 |
| 21. | ओडीसा | 21.09 |
| 22. | पंजाब | 8.70 |
| 23. | राजस्थान | 27.92 |
| 24. | सिक्कीम | 0.44 |
| 25. | तामिलनाडू | 36.78 |
| 26. | त्रिपूरा | 2.71 |

| | | |
|---|---|---|
| 27. | उत्तरप्रदेश | 96.15 |
| 28. | उत्तराखंड | 5.03 |
| 29. | पश्चिम बंगाल | 38.09 |
| 30. | अंदमान आनी निकोबार जुंवो | 0.16 |
| 31. | चंदीगड | 0.31 |
| 32. | दादर आनी नगर हवेली | 0.15 |
| 33. | दमण आनी दीव | 0.07 |
| 34. | लक्षद्वीप | 0.05 |
| 35. | पाँडीचेरी | 0.50 |
| | वट्ट | 549.26 |

डॉ. संजय सिंह
भारत सरकाराक जोड सचिव